Panaji regional 28 august 2026 at 7.25 am

सीएम ईडीसी 145

मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षते खाला अर्थिक उदरगत मंडळ म्हणजेच ईडीसी लिमिटेडची चारशें णववी बसका जाली. हे बसकेंत मुदतीच्या रिणांक मंजुरी दिवपा सयत जायते मुखेल धोरणात्मक आनी अर्थीक निर्णय घेतले.

मंडळान अर्थिक वर्स 2025-26 वर्साच्या सुमार 128 कोटी रूपया येणावळ आनी सुमार एकोण सत्तर रूपया कोटी फायदो मेळून एकठांय अर्थीक वेव्हाराक मान्यताय दिली. गोंयची उद्देगीक वेवस्था घटमूट केल्ले खातीर ईडीसी पंगडाची आनी अधिकाऱ्यांच्या सेगीत यत्नांची मुखेलमंत्र्यांनीं तोखणाय केली.

तशेंच मुखेलमंत्र्यांनीं हालींच दुरुस्त केल्ल्या मुखेलमंत्री सुधारीत व्याज सवलतीचे येवजणेचोय नियाळ घेतलो. हे येवजणे वरवीं सौर प्रकल्पां खातीर अतिरिक्त 5 टक्के सवलत आनी वर्किंग कॅपिटल टर्म रिण येवजणे खाला रिणां खातीर 15 लाख रूपयां मेरेन अतिरिक्त सवलतीचो आस्पाव आसा.

खेलो इंडिया' श्रीपाद नायक

केंद्रीय ऊर्जा , नवीन आनी नवीकरणीय ऊर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हांणी राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे हांच्या वांगडा म्हापशेच्या सेंट झेवियर्स म्हाविद्यालयात आयोजीत 'खेलो इंडिया' संवाद कार्यावळींत वांटो घेतलो.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सेंट झेवियर्स महाविद्यालयाच्या विद्यार्थ्यां कडेन व्हर्च्युअल पद्धतीन संवाद साधलो आनी तांकां आपल्या जीणेंत फिटनेस आनी खेळाचो स्वीकार करपा खातीर प्रेरित केले.

ह्या संवादात निरोगी जीणेशैली, सकारात्मक इश्टवर्ग आनी खेळाच्या माध्यमातल्यान व्यसन मुक्त समाज निर्माण करपाच्या गरजेचेर मार्गदर्शन केले.

श्रीपाद नायक हांणी सेंट झेवियर्स महाविद्यालयाच्या खेळगड्यांचो सन्मान करून तांच्या खेळांतली गुणवत्ता आनी उत्कृश्ट कामगिरीची तोखणाय केली.

राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी विद्यार्थ्यांक तंदुरुस्तीक आपल्या

दिसपट्टे जीणेचो अविभाज्य भाग करपाचे आवाहन केले. खासदार तानावडे हांणी मुखार सांगलें.

आप मजत गट रश्मी 160

गोंयच्या आप मजत गटां वरवीं बांयला वेगवेगळ्या मळार काम करून अर्थिक रितीन सक्षम जाल्यांत. गोंयच्या आप मजत गटांची देख महाराश्ट्र ,उत्तर प्रदेश तशेंच हेर राज्यांनी घेवपा सारखी आसा अशे मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी म्हणलां.

गांवगिऱ्या वाठारांची उदरगत करपाक बायलांचो आनी शेतकारांचो व्हड वांटो आसा अशे तांणी सांगलें. गोंयच्या शेतकी मळाक घटमुट करपाक बायलांनीं ग्रामीण उदरगत यंत्रणे वरवीं व्हड योगदान दिला. शेता शिवाय हेर मळांचे लेगीत गोंयच्या बायलांनी महत्वाचे योगदान दिल्ल्याचें मुखेलमंत्र्यानीं म्हळें. .

ते केंद्रिय ग्रामीण उदरगत मंत्रालयान , दिनदयाळ अंत्योदय येवजण आनी राष्ट्रीय ग्रामीण उदरनिर्वाह मिशनच्या जोडपालवान आयोजित केल्ल्या चवथ्या(4th) National Supportive Supervision Framework च्या विभागिय कार्यशाळेच्या समारोप सुवाळ्यांत उलयताले.

सुभाष फळदेसाय 30

दिव्यांगजन सशक्तीकरण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी पर्वरीच्या नव्या बाजाराच्या संकुलांतल्या 'बी' इमारतीच्या तिसऱ्या मजल्यार आशिल्ल्या गोंय सरकाराच्या 'दिव्यांगजन सक्षमीकरण विभागा'च्या नूतनीकरण केल्ल्या आनी दिव्यांग-स्नेही कार्यालयाचें उक्तावण केलें.

SPORTS

दादल्यांच्या क्रिकेटात कोलंबोत भारत आणि श्रीलंका मदलो दुसरो आनी निमणो कसोटी खेळ अनिर्णित उरलो; पाचव्या आणि निमण्या दिसा  यजमान पंगडान आपल्या दुसऱ्या डावात ९ बाद चारशे एकोणतीस धावड्यो केल्यो

Imd

राज्यात हलको वा मध्यम स्वरूपाचो पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. गोंयांत खास शिटकावणी काय ना.